# उत्कृश्ट प्रशासन आनी उत्कृश्ट पध्दतीचे अनुकरण- परिशदेचो समारोप

ता. 15 सप्टेंबर 2017
24 भाद्रपद 1939

दोनापावला हांगाच्या इंटरनॅशनल सेंटरात आयोजित केल्ल्या उत्कृश्ट प्रशासन आनी उत्कृश्ट पध्दतीचे अनुकरण विशयावयल्या दोन दिसाच्या विभागीय परिशदेचो आयज समारोप जालो. ही परिशद केंद्रीय कार्मीक मंत्रालयाच्या प्रशासकीय सुदारणा आनी लोक गा-हाणी विभागान गोंय सरकाराच्या प्रशासकीय सुदारणा खाते आनी गोवा लोक प्रशासन आनी ग्रामीण उदरगत संस्थेच्या सहकार्यान आयोजित केल्ली. परिशदेत सहभागी प्रतिनिधीनी उत्कृश्ट प्रशासनाचे उद्दिश्ट साध्य करपाच्या पध्दतीचेर भासाभास केली.

मुख्यमंत्री श्री. मनोहर पर्रीकर हांणी परिशदेच्या समारोप कार्यक्रमाचे मुखेल सोयरे म्हुण उलयताना, प्रशासनात योग्य वेव्हार पध्दतीचो स्वीकार करून आनी सरकारी यंत्रणांक कार्यक्षम, पारदर्शक आनी कर्तव्यदक्ष करून उत्कृश्ट प्रशासनाचो उद्देश साध्य करप शक्य आशिल्ल्याचे सांगले. सरकारी अधिका-यांनी आपल्या कर्तव्याची जाणीव दवरून लोकांक बरी आनी वेळार सेवा दिवप हीवूय गजाल उत्कृश्ट प्रशासनाखातीर गरजेची आसा.

स्वच्छ भारत अभियानाचेर उलयताना मुख्यमंत्र्यान नितळसाण ही आमच्या जीणेचो भाग आसून आमी नितळसाणेची सवय लावन घेवपाची गरज आसा. स्वच्छ भारत-नितळ गोंयचे उद्दिश्ट साध्य करपाखातीर प्रत्येकान हया अभियानाक सहकार्य करपाची गरज आसा, अशेंय तांणी सांगले.

केंद्रीय उत्तर-पूर्व विभाग राज्यमंत्री (स्वतंत्र प्रभार) डॉ. जितेंद्र सिंग हांणी उत्कृश्ट प्रशासनाखातीर वेगवेगळया पध्दतीचेर भासाभास करून उत्कृश्ट पध्दतीचो स्वीकार करप आनी जनतेक बरी सेवा दिवपाचो प्रयत्न करप हो परिशदेचो उद्देश आशिल्ल्याचे सांगले.

मुख्य सचिव श्री. धर्मेंद्र शर्मा हांणी उत्कृश्ट प्रशासन म्हळयार लोकांक कार्यतत्परतेन बरी सेवा दिवप अशें सांगले.

केंद्रीय प्रशासन सुदारणा आनी लोक गा-हाणी विभागाचे सचिव श्री. सी. विश्वनाथ हांचेय हयावेळार उलवप जाले.

गोवा लोक प्रशासन आनी ग्रामीण उदरगत संचालक श्री. मॅथ्यू सॅम्यूएल, प्रशासकीय सुदारणा आनी लोक गा-हाणी विभागाच्यो जोड सचिव श्रीमती स्मिता कुमार आनी वेगवेगळया राज्याचे प्रतिनिधी समारोप कार्यक्रमाक हजर आशिल्ले.